10th July 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- भारत आनी ऑस्ट्रेलियेन संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याचेर, नवे संयुक्त घोशणापत्र मंजूर केला. भारताक, ऑस्ट्रेलियन युरे-नियमाची दीर्घकाळ पुरवण करपाचे मान्य जाला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, न्यूझीलंडाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर, ऑकलँडात पावतले.
- सुरक्षीत शिमो, समृध्द शिम प्रदेश आनी जागृत समाज एकठांय येवन, देश सुरक्षीत करूंक शकतात, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.
- फुटबॉल विश्वचषकात फ्रांसान मोरोक्कोचेर 2 आड 0 अशी मात करून, उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.

भारत ऑस्ट्रेलिया -

भारत आनी ऑस्ट्रेलियेन संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याचेर नवे संयुक्त घोशणापत्र आनी दर्यावेल्या सुरक्षा सहकार्याचो आराखडो आपणायला, जाका लागून मुक्त, उक्ती आनी समावेशक भारत-पॅसिफिकाक चालना मेळटली. काल मेलबर्नांत जाल्ल्या, तिसऱ्या ऑस्ट्रेलिया-भारत वर्सुकी फुडाऱ्यांच्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ताचे ऑस्ट्रेलियन समकक्ष अँथनी आल्बानीस हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पावडयाचेर जाल्ले उलोवणी उपरांत, हि कबलात जाल्या. उलोवपा उपरांत, संयुक्त पत्रकार निवेदनांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, भारत-पॅसिफिक हो फकत दोन म्हासागरांचो केंद्र बिंदू

न्हय तर भारत आनी ऑस्ट्रेलिया सारक्या समान विचारांच्या लोकशाय देशांची आकांक्षा दर्शयता. प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी हांणी सांगलें, कि भारताक ऑस्ट्रेलियन युरे-नियमाची दीर्घकाळ पुरवण करपाची प्रशासकीय वेवस्था, दोनूय वटांनी मान्य केल्या. हे कबलाती वरवीं भारताची निवळ उर्जा कार्यावळ घटमूट जातली, अशी अपेक्षा आसा.

पीएम न्यूझीलंड -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, न्यूझीलंडाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर, ऑकलँडात पावतले. प्रधानमंत्री मोदी न्यूझीलंडांतले तांचे समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे कडेन उलोवणी करतले. फाटल्या दोन वर्सांत खास करून वेपार आनी वाणिज्य तशेच संरक्षण मळार, म्हत्वाची प्रगती जाल्ल्या द्‌विपक्षीय संबंदाचो दोनूय फुडारी नियाळ घेतले. 40 वर्सां उपरांत, भारतीय प्रधानमंत्रीची हि पयली, न्यूझीलंड भेट आसतली. प्रधानमंत्री मोदी नामनेच्या वेवसायीक आनी खेळां व्यक्तीं कडेन संवाद सादतले. भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं आशिल्ल्या घटमूट संबंदाचें प्रतिक म्हणून, प्रधानमंत्री हे भेटी वेळार, भारतीय लोकांच्या मेळाव्याक संबोधीत करतले.

गृहमंत्री अमित शाह -

सुरक्षीत शिमो, समृध्द शिम प्रदेश आनी जागृत समाज एकठांय येवन, देश सुरक्षीत करूंक शकतात, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. नवी दिल्लींत शिमेवयल्या जिल्ह्यांतल्या,

पुलीस अधीक्षकांच्या परिशदेत गृहमंत्री उलयतालें. देश पुरायपणान घुसखोरी मुक्त करपा खातीर, सरकार एक घटमूट वेवस्था तयार करता. ह्या उपक्रमांतल्यान स्थलांतर आडावपाचे, नोकऱ्यो निर्माण करपाचे, सरकारी कल्याणकारी येवजण्यांची शंबर टक्के अंमलबजावणी करपाचे यत्न सुरू आसात, अशें गृहमंत्री शहा हांणी व्हायब्रेंट व्हिलेज कार्यावळीचो उल्लेख करतना सांगलें.

Melbourne Australia PM -

भारत 21व्या शेकड्यांतलो विकसीत राश्ट्र जावपाच्या, दिकेन वाटचाल करता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. आयचो भारत हो अदीक प्रगत करपाच्या आनी अदिक येस मेळोवपाचेर, विश्वास दवरपी आसा, अशें प्रधानमंत्र्यांनी नमूद केलें. मेलबर्नांतल्या एका सामाजीक कार्यावळींत उलयतनां प्रधानमंत्र्यांनीं, ह्या सिडनींतल्या भारतीय समुदायाच्या वांगड्यां बरोबर, जाल्ले भेटेचो उगडास काडलो.

Sitharaman GCC -

भारतांत कुशळ कामगार, घटमूट संस्था, आनी नवनिर्माण हाका लागून जागतीक क्षमता केंद्रां खातीर, (जीसीसी) सगळ्यांत चड पसंत आशिल्ल्या सुवातीमदीं भारत आसा, अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या सी.आय.आय नॅशनल जीसीसी बिझनेस समिट-2026सात उलयतनाव, अर्थ मंत्र्यानी देशांत 2 हजार 100 वयर जीसीसी आसात, जातूंत 23

लाखां परस चड लोकांक थेट काम मेळटा, अशें नोंद केलें. ह्या केंद्रांतल्यान वर्सुकी सुमार १०० अब्ज डॉलर येणावळ मेळटा. अभियांत्रिकी, संशोधन, कृत्रीम बुद्धिमत्ता, सायबर सुरक्षा, अर्थ, उत्पादन डिझायन, आनी डेटा शास्त्र एकठांय करून हीं केंद्रां नवनिर्माणाक पोसवण दितात, अशें तिणें अधोरेखित केले.

अर्थमंत्र्यांनी नमूद केले की, बहुराष्ट्रीय कंपनि, भारतात आपली क्षमता केंद्रा स्थापन करपाक चडांत चड उत्सुक आसात. भारताची जीसीसी पर्यावरण यंत्रणा संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या, संघटीत गिन्यान निर्यात केंद्राचें प्रतिनिधित्व करता हाचेर तिणें भर दिलो. भारताची आकांक्षा फकत जागतीक क्षमता केंद्रांक येजमानकी दिवप न्हय, तर फुडल्या तंत्रगिन्यान आनी उद्देगांत फुडाकार घेवप ही आसा, अशें तिणें सांगलें.

PM Meritime Security -

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया हांणी युरेनियम पुरवण आनी समर्पीत महत्वाच्या खनिज, कॉरिडोराचेर इतिहासीक समजीकायेच्या करारांचेर सयो केल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांचे ऑस्ट्रेलियन समपदस्थ, अँथनी अल्बानीज हांणी काल मॅलबर्नांत आयोजित केल्ल्या, तिसऱ्या ऑस्ट्रेलिया भारत वर्सुकी फुडारी शिखर परिशदेंत वांटो घेतलो. ह्या वेळार तांच्यांनी द्विपक्षीय संबंद अदिक घटमूट करपाच्या उद्देशान, शिश्टमंडळ स्तराचेर चर्चा केली. शिखर परिशद सोपल्या उपरांत, व्हिक्टोरियाच्या गर्व्हमॅण्ट हावजांत, दोनुय प्रधानमंत्र्यांनीं जोड पत्रकार परिशद घेतली. दोनुय फुड़ाऱ्यांनीं द्विपक्षीय संबंधातल्या महत्वाच्या बदलांक येवकार दिलो आनी प्रादेशिक स्थिरताय, ऊर्जा, संरक्षण आनी तंत्रगिज्ञान नवनिर्माणा

खातीर, सहकार्य आराखड्याक निमणें रूप दिलें. इंडो-पॅसिफिक वाठारांत शांतिकाय आनी स्थैर्य सुनिश्चित करपाच्या उद्देशान, दोनूय देशांनीं संरक्षण सहकार्याच्या इतिहासीक जोड घोशणा पत्राचेर सयो केल्यो. हें विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

Goa ONOE –

प्रस्तावीत 'एक राष्ट्र, एक वेंचणूक' कायद्याची तपासणी करपी, संयुक्त संसदीय समिती आयज आनी फाल्यां गोंयांत व्यापक सल्लामसलत करतली. समिती आपल्यो शिफारशी करचे पयलीं, समाजांतल्या वेगवेगळ्या वर्गांतले विचार एकठांय करपा खातीर, देशव्यापी संपर्क मोहिमेचोच एक भाग म्हूण हि समिती गोंयाक भेट दिता.

Football FIFA -

फुटबॉल विश्वचषकात फ्रांसान मोरोक्कोचेर 2 आड 0 अशी मात करून, उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या. अमेरिकेंतल्या बोस्टन शारांत जाल्ले पयले क्वार्टर फायनल मॅचींत, पयल्या अर्दांत गोल जावंक नाशिल्ले. दुसऱ्या अर्दांत काइ-लियन एम-बापेन 60व्या मिणटार आनी औस्मान डेम्बे-लेन 66व्या मिणटार गोल करून फ्रांसाक जैत मेळयलें. पिरायेच्या 30साव्या वर्सा पयलीं, 20 विश्वचषकांत गॉल करपी एम-बाप्पे हो पयलो खेळगडो जाला. फ्रांस सेगीत तिसरे खेपे विश्वचषक उपांत्य फेरयेंत पावला. आज रातीं दुसरे क्वार्टर फायनलींत, स्पेन बेल्जियमा आड खेळातलो. मजगतीं,

नॉर्वे इंग्लंडा आड खेळटलो, आनी आर्जेन्टिना स्वित्झर्लंड आड खेळ जावपाचो आसा.

बटरफ्लाय टेबल टेनिस -

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बटरफ्लाय अल्टिमेट टेबल टेनिस (UTT) सीझन 7चे उक्तावण केले.  ही सर्त बांबोळे डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियम हांगा सुरू आसा. मुख्यमंत्री सावंत हांणी UTT चे आयोजक, खेळाडू आनी सगळ्या सहभागींचें गोंयांत स्वागत केलें. टेबल टेनिस खेळाचो प्रचार-प्रसार करून, खेळाड्यांक खातीर संसारीक मळावेली माची उपलब्ध करून दिल्याबद्दल आयोजकांची मुखेलमंत्र्यान तुस्त केली. गोंय सरकार राज्यांत खेळामळार लागपी मुळाव्यो सुविधा  घटमुट करपाक आनी तरणाट्या खेळगड्यांक उर्बा दिवपाक, सदाच तेको दीता. गोंय हें राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय दर्जाच्या क्रीडा स्पर्धांचें पसंतीचें केंद्र म्हणून उदयाक येत आसा, अशे हेवेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज, उत्तराखंडांत एकसुरे सुवातेर घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला. जाल्यार अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी आयज व्हडा प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3-4 दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत मध्य

प्रदेश आनी मध्य महाराष्ट्रात लेगीत मोठो पावस पडपाचो अदमास आसा. मजगतीं, आयज सकाळीं सावन राष्ट्रीय राजधानीच्या जायत्या वाठारांनी पावसान काय प्रमाणात हजेरी लायली. हवामान खात्यान राष्ट्रीय राजधानीत येलो अलर्ट जारी केला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारत आनी ऑस्ट्रेलियेन संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याचेर, नवे संयुक्त घोशणापत्र मंजूर केला. भारताक, ऑस्ट्रेलियन युरे-नियमाची दीर्घकाळ पुरवण करपाचे मान्य जाला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, न्यूझीलंडाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर, ऑकलँडात पावतले.
- सुरक्षीत शिमो, समृध्द शिम प्रदेश आनी जागृत समाज एकठांय येवन, देश सुरक्षीत करूंक शकतात, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.
- फुटबॉल विश्वचषकात फ्रांसान मोरोक्कोचेर 2 आड 0 अशी मात करून, उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.

--------------